गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी गोंय

<u>सरकारी पत्रक</u>

**<u>अंगणवाडी सेवीकांक रोखडेंच सेवानिवृत्तीचे फायदे मेळटले-मुख्यमंत्री</u>**

ता. 31 ऑगस्ट 2019

अंगणवाडी सेवीकांच्या मागण्यांविशीं सरकाराक सहानुभूती आसून राज्यातल्या पात्र अंगणवाडी सेवीकांक रोखडेंच सेवानिवृत्तीचे फायदे मेळटले, अशें उतर मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज साखळेच्या रविंद्र भवनात राज्य पावंड्यावयल्या पोशण म्हयनो कार्यक्रमाचो बायलां आनी भुरगीं उदरगत मंत्री श्री. विश्वजीत राणे हांचे उपस्थितीत शुभारंभ केले उपरांत उलयताना दिले.

बायलां आनी भुरगीं उदरगत खात्यान हेर वेगवेगळ्यां खात्यांच्या सहकार्यान आयोजीत केल्ल्या कार्यक्रमाक खात्याचे सचीव श्री. सी. आर. गर्ग, संचालक श्री. दिपक देसाय, नगरसेवक श्री. आनंद काणेकर हजर आशिल्ले.

ह्या वेळार मानेस्तांच्या हस्तुकीं अंगणवाडी सेवीकांक स्मार्ट फोन वितरीत केले. तशेंच अंगणवाडी भुरग्यांखातीर च्योको पावडर वितरीत केलो.

डॉ. सावंत हांणी अशा कार्यक्रमांतल्यान कुपोशणाची समस्या पयस जावन भुरग्यांची निरोगी वाड जावपाक मजत जातली अशें सांगले.

बायलां आनी भुरगीं उदरगत मंत्री श्री. विश्वजीत राणे हांणी प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांचे व्हिजन पूर्ण करपाखातीर अंगणवाडी सेवीकांक स्मार्ट फोनाच्या मजतीन डाटा बेस तयार करपाचो उलो मारलो आनी गोंय आपले उद्दीश्ट दिल्ल्या वेळेत पूर्ण करतले , अशें सांगले. राज्यात नवीन 100 अंगणवाडी ईमारती बांदपात येतल्यो अशेंय तांणी सांगले.

श्री. सी. आर. गर्ग हांचेय ह्या वेळार उलवप जाले.

सुरवेक संचालक दिपक देसाय हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. सीडीपीओ श्रीमती श्वेता परूळेकर हांणी निमणे उपकार मानले.

उपरांत मुख्यमंत्री डॉ. सावंत आनी विश्वजीत राणे हांणी बावटो दाखोवन रॅलीचो शुभारंभ केलो.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/558

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA